**मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर गोंय मुक्ती दीस सुवाळो जालो**

**भौशीक बांदकाम  मंत्र्याहस्तुकीं तिरंगो बावटो हुबयलो**

ता. 19  डिसेंबर 2025

मडगांवच्या माथानी साल्डाना प्रशासकीय संकुलांत आयोजीत जिल्हा पांवड्यावयल्या  गोंय मुक्ती दीन सुवाळ्यात भौशीक बांदकाम  मंत्री श्री दिगंबर कामत हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो.

सुरवातीक दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस आनी दक्षीण गोंय पुलीस अधिक्षक श्री.  टिकम सिंग वर्मा हांणी सुवाळ्याच्या थळार मंत्र्याक येवकार दिलो. श्री.  कामत हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी केली.

संचलनात पुलीस आनी होमगार्ड पंगडा सयत सरकारी हायस्कुल,  वालकिणी-सांगे, पीएम नवोदय विद्यालय,  काणकोण,  सरकारी हायस्कुल,  आंबावली काणकोण,  सेंट एन्थनी हायस्कुल,  गालजिबाग,  रोझरी कॉन्वेंट हायस्कुल,  नुवें आनी अवर लेटी ऑफ हेल्थ हायस्कुल, कुंकळ्ळीच्या विद्यार्थ्यांनी  संचलनात भाग घेतलो.   ह्या वेळार  विद्यार्थ्यांनी साबार सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केले.

आमदार श्री. आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स,  अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री.  श्रीनेत कोठवाळे, श्री. रमेश गावकर, आदले खासदार श्री. एदुआर्द फालेरो, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थ्यी, नागरीक  आनी  सरकारी अधिकारी सुवाळ्याक उपस्थित आशिल्लें.

श्री.  अनिल पै हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/972

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.